प्रादेशिक खबरो १३.११.२०२५ @ ७.२५ am

रश्मी 90

भौशिक बांधकाम खाते,उदकास्त्रोत खाते, पिवपाच्या उदकाचे खाते, तशेंच वीज खात्याचे मुख्य अभियंताक 62 वर्सा मेरेन पिराय वाड दीवपाचो निर्णय मंत्रीमंडळाच्या बसकेत दीला.मात हि वाढ जर ह्या पात्र उमेदवार मेळुंक ना जाल्यारूच दीतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.byte AGE

2017 मेरेन कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपी सरकारी म्हामंडळ,निम सरकारी मंडळ हांका भविश्य निर्वाह नीधी दीवपाचे थारायला.

तशेच directorate of forensic scienceत 70 कर्मचारी भरती करपाचो निर्णय जाला. goa renewable energy development क आता कंपनी करपाचो निर्णय जाला. कुर्टी तशेंच कोडार सरकारी पशुचिकीत्सा म्हाविद्यालयाखातीर सरकारी मालकीची सुवात दीवपाचो निर्णय जाला.BYTE LAND

सुभाष 120

भौशीक सुरक्षा आनी भटक्या सुण्यांच्या वेवस्थापनाचेर सु मोटो केशीत सर्वोच्च न्यायालयान ७ नोव्हेंबराक या संदर्भात दिल्ल्या आदेशा प्रमाण गोंयांतल्या सगल्या शाळांनी , म्हाविद्यालयांनी तशेंच हेर शिक्षणिक संस्थांनी आपले कॅम्पस हेडग्या सूण्यांपासत सुरक्षीत दवरचे अशें शिक्षण संचालनालयान एक परिपत्रक जारी करून निर्देश दिल्यांत. संस्थांक आठ सप्तकां भितर फावो ती फेन्सिंग, शिमेच्यो वण्टी, आनी गेटीं आसपाची खात्री करपाक आनी पालन अहवाल संचालनालयाक सादर करपाक सांगलां. तशेंच दरेक संस्थेन कॅम्पस नितळसाण आनी हेड्ग्या सुण्यांचो प्रवेश आडावपा खातीर जापसालदार नोडल अधिकारी नेमचो पडटलो, तांचो तपशील प्रवेशदाराचेर दाखोवचो पडटलो आनी थळाव्या पालिका अधिकाऱ्यांक कळोवचो पडटलो. दर तीन म्हयन्यांनी नेमान तपासणी करची पडटली आनी विद्यार्थ्यां खातीर आनी कर्मचाऱ्यां खातीर जनावरांची सुरक्षीतताय आनी

चाबल्यार पयली मदत करपा विशीं जागृताय सत्रां करपाचीय सक्ती आसा अशें परिपत्रकांत स्पश्ट केलां.

रश्मी 50

बारीक सारीक कामांखातीर दुसऱ्यांचेर निंबुन रावपाची सवय आमका जाल्या.हाका लागुन वेगवेगळ्या मळार संद आसुन लेगीत गोंयकारांक ह्या संदेचो लाव मेळना. कमी व्याजाचेर तशेंच हमी नासतना गोंय अर्थिक उदरगत म्हामंडळ रीण दीता. तरणाट्यांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी स्वंयरोजगार येवजणेच्या सुधारीत आवृत्तीच्या अनावरणा वेळार उलयताना म्हणले ..Byte- स्वयम

DIP/गणेश 60

कामाच्या सुवातेर बायलांचो लैंगीक छळ (प्रतिबंध, मनाय आनी निवारण) कायदो, 2013 च्या फाटभुयेर, बायलां आनी भुरगी विकास खात्यान दरेका जिल्ह्यांतल्या सगळ्या भौशीक आनी खाजगी कार्यालयांक, संघटनांक, उपक्रमांक, उद्देगीक आस्थापनांक, शिक्षणीक संस्थांक, खाजगी क्षेत्रांतल्या संघटनांक, हॉस्पिटलांनी, खेळां संस्थांक, पयली स्थापन जावंक ना जाल्यार, अंतर्गत समिती स्थापन आनी ताचे पालन करून उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या संबंदीत जिल्लो अधिकाऱ्यांक अहवाल सादर करपाक निर्देश दिल्या.

DIP 70

कारखानो आनी बॉयलर निरिक्षकानी पणजेत “धोकादायक प्रक्रिया उद्देगांत काम करपी देखरेख कर्मचाऱ्यां खातीर सुरक्षीतताय आनी भलायके विशीं चार सप्तकांचो प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम” घडोवन हाडला. कारखाने आनी बाश्पक खात्याचे मुख्य निरिक्षक अनंत पंगम हांणी कारखानो कायदो, 1948 च्या कलम 41 सी खाला

थारायल्यो तरतुदी पुराय करपा खातीर अभ्यासक्रमाचें म्हत्व उक्तायलें. पात्र व्यक्तींची गरज लक्षांत दवरून, खातें अशे अभ्यासक्रम घडोवन हाडटा, जाका लागून देखरेख करप्यांक सुरक्षीत प्रणाली आनी कार्यपद्दती विशीं अंतर्दृष्टी मेळोवपाची संद मेळटली

Sports 40

गोंयच्या रिओ रिसॉर्टांत फिडे वर्ल्ड कप 2025 च्या चवथ्या फेरयेची सुरवात जाली आनी पयल्या खेळात 16 खेळांतले 14 खेळ बरोबरीत सोंपले. पाचय भारतीय खेळाडू - प्रज्ञानंद, अर्जुन एरिगाईसी, पेंटाला हरिकृष्ण, प्रणव वेंकटेश आणि कार्तिक वेंकटराम हे त्यांच्या प्रतिस्पर्ध्यांसयत  गुण सामायिक करपी  खेळाडूंमदी आशिले.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 20.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले आनी धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला